**उणाक दर्ज्याचो चिवडा, मिठाय  उत्पादक आनी विक्रेत्याक दंड**

ता. 30 ऑक्टोबर 2023

अन्न आनी वखदां प्रशासन संचालनालयाच्या अन्न सुरक्षा अधिकाऱ्यानी अन्न सुरक्षा आनी मानक कायद्याखाला केल्ल्या एका कारवायेच्या प्रकरणात उणाक दर्ज्याचे मिक्स चिवडा उत्पादन आनी विक्री केल्ले खातीर मे. साईबाबा बेकर्स एण्ड स्विट्स (उत्पादक), कणकाबांद पर्रा, बार्देस आनी साईबाबा स्विट्स एण्ड बेकरी (विक्रेता) शॉप नं. A2-7, केनरा बँके सामकार, मरड-म्हापसा ह्या आस्थापनांचे मालक शेखर उसपकर हांका 10,000/- रूपया दंड फारीक करपाचो आदेश दिला.

तशेंच दुसऱ्या एका कारवायेच्या प्रकरणात उणाक दर्ज्याची `Kaju Apple मिठाय विक्री केल्ले खातीर मे. भवानी स्विट्स एण्ड ड्राय फ्रुट्स, खावोजा मंजील, फेरा बायस, म्हापसा ह्या आस्थापनांचे मालक विक्रम सिंग पुरोहित हांका 20,000/- रूपया दंड फारीक करपाचो आदेश दिला.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/847

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa, Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.